# गोंय विद्यापीठान एका प्रोजेक्ट स्टाफ पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 23 जानेवारी 2026

गोंय विद्यापीठान गोंय राज्य रिसर्च फांऊडेशन पुरस्कृत "**Digital Empowerment: Transforming Financial Independence for Goa's Senior Citizens**" ह्या विशया वयल्या प्रकल्पाचेर गोंय विद्यापीठाच्या गोवा बिजनेस विभागात काम करपाक एका प्रोजेक्ट स्टाफ पदा खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सांचो आसा आनी म्हयन्याक एकत्रीत 20,000/- रूपया मानधन दितले. उमेदवाराची पिराय 35 वर्सां परस चड आसची न्हय. उमेदवारा कडेन कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत वाणिज्य/अर्थिक सेवा/वेवस्थापन विशयात मास्टर पदवी पात्रताय आसपाक जाय.

मुलाखत 28 जानेवारी 2026 दिसा दनपारां 3.00 वराचेर गोवा बिजनेस स्कुल विभाग, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. उमेदवारांनी अर्थिक सेवा विभाग प्रमूख डॉ.पौर्णिमा एस. धुमे हांच्या नाम्याचेर अर्ज बरोवचो आनी गोवा बिजनेस स्कुलाच्या कार्यालयांत आवश्यक दाखले, गुणपत्रिकेच्यो स्वता प्रमाणित केल्ल्या प्रती सयत सादर करचो. उमेदवरांनी मुळ दाखले वांगडा घेवन येवचे.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/65

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.